# Panaji regional news 12 April 2026,7.20pm

## शिरगाव जात्रा

शिरगांव हांगा लयराय जात्रेच्या पयले दिसा 21 एप्रिलाक फकत 34 दुकाना/स्टॉलाक मान्यताय दितले. 21 तारखे उपरान दुकानांचो आकडो वाडटलो मात तो मर्यादित आसतलो. धोंड तशेच हेर लोकांच्या सुरक्षा वेवस्थेचो विचार करून प्रशासननान हो निर्णय घेतला. उत्तर गोंय जिल्होधिकारी अंकित यादव हाणी ही म्हायती दिली.शिरगांव लयराय देवीची जात्रा अंदू 21 एप्रिलाक जातली. फाटले वर्सा जात्रे दिसा खेटा खेटी जावन 6 जाणाक मरण आयील्ले जाल्यार 70 परस चड भाविक जखमी जाल्ले. शिरगांवच्या वर्सुकी जात्रेक व्हडा प्रमाणात गर्दी जाता. फाटले वर्सा प्रमाण खेटाखेटी सारको प्रकार जावचो न्हय म्हूण अंदू सरकार तशेच प्रशासनान उपाययेवजण्यो घेतल्या. रस्ते रुंद करपा सयत येरादारी तशेच पार्किंगा खातीर खासा वेवस्था केल्या. ज्या रस्त्यावेल्यान धोंड होमकुंडाकडेन वतात त्या रस्त्या कुशीक ऐकूय दुकान आसचे ना. पयले दिसा 21 तारखेक देवळा फाटल्यान आशिल्ल्या मैदानाचेर 15 दुकाना आसतली. हेर रस्त्यांचेर 10 जाल्यार तळी कुशीक 9 दुकाना आसतली. जात्रेच्या दुसऱ्या दिसा उपरान गर्दी उणी जाता. हाका लागून 22 तारखे सावन चड दुकाना आसतली मात निर्बंध आसतलेच. सुरक्षा उपाय आनी आराखडो तपासुन समिती दुकानाक मान्यताय दितली. येरादारी आनी लोकांक आडखळ जावची ना, अशे पद्दतीन दुकानांच्या थळा निश्चित केल्या.गर्दीचेर नियंत्रण दवरपा सयत सुरक्षेचो नियाळ घेवपा खातीर 30 परस चड सुवातांचेर सीसीटीव्ही कॅमेऱ्यांची वेवस्था केल्या. उत्तर गोंय जिल्होधिकारी, दिवचलचे उपजिल्होधिकारी हे हेर अधिकाऱ्यां सयत दर दिसा सुरक्षा उपाय येवजण्यो तशेच हेर कामांचो नियाळ घेत आसा.

## घरगुती हिंसाचार कायदो

बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालय घरगुती हिंसाचार कायदो, 2005 खाला सेवा पुरवणदार म्हूण एनजीओक एम्पॅनल करतले, म्हल्यात न.जी,ओ क नेमतले.जाका लागून बायलांक कायदेशीर, वैजकी, अर्थीक, आनी आश्रय आदार दिवपाक मदत जातली. सोसायटी नोंदणी कायदो, 1860, कंपनी कायदो, 1956, वा हेर खंयच्याय लागू आशिल्ल्या कायद्या खाला नोंदणीकृत स्वयंसेवी संघटनां घरगुती हिंसाचाराक तोंड दिवपी बायलांक मजत

करपा खातीर सेवा पुरवणदार म्हणून खात्यान एम्पेनल करतले. खात्यान हे संबंदी एनजीओ कडल्यान 30 एप्रील मेरेन अर्ज आपयल्यात. अशा गरजू घटकांक कायदेशीर मजत, वैजकी मजत, अर्थीक मजत, आनी हेर प्रकारच्या आदाराक सक्षम करून घरगुती हिंसाचाराक तोंड दिवपी बायलां खातीर आदार वेवस्था घटमूट करपाचो ह्या उपक्रमाचो हेतू आसा. वेंचून काडिल्ल्या सेवा पुरवणदारांक घरगुती घडणुकेचे अहवाल नोंद करपाक, जिवंत उरिल्ल्या लोकांची वैजकी तपासणी करपाक सुविधा दिवपाक आनी गरज पडल्यार आश्रय घरांनी प्रवेशाची खात्री करपाक नेमतले .

**मुख्यमंत्री कौशल्या मार्ग येवजण**

गोंय सरकाराच्या कुशळटाय विकास आनी उद्देजकता संचालनालयान (डीएसडीई) मुख्यमंत्री कौशल्या मार्ग येवजणे खाला अल्पकाळांतल्या विंगड विंगड कुशळटाय अभ्यासक्रमांत प्रवेश जाहीर केला. रोजगारक्षमता आनी उद्देजकतेच्यो संदी वाडोवपाचो हेतू आशिल्ल्या ह्या अभ्यासक्रमांत तंत्रीक वेवसाय, डिजिटल कुशळटाय, सृजनशील कला, आनी शेती अशा विंगड विंगड क्षेत्रांचो आस्पाव जाता. ऑफरांत एलईडी टीव्ही तंत्रज्ञ, मोबायल दुरुस्ती, डिजिटल मार्केटिंग, ग्राफिक डिझायनिंग, सौर पॅनल देखरेख, किरकोळ विक्री, आनी मुळावी फोटोग्राफी, हेरां सयत आसात. अभ्यासक्रमां खातीर पात्रताय 5 वी पास ते आयटीआय आनी 12 वी पास मेरेन आसा. अर्ज सादर करपाची निमाणी तारीक 30 एप्रिल 2026 मेरेन आसा.

**पुरवणी परीक्षेचे वेळापत्रक**

गोंय शालांत मंडळान एप्रिल २०२६ बारावेच्या पुरवणी परीक्षेचे वेळापत्रक जाहीर केला. प्रायोगिक परीक्षा २४ एप्रिल २०२६ सावन जाल्यार लेखी परीक्षा २७ एप्रिल २०२६ सुरू जातल्यो.ऑनलायन अर्ज सादर करपा खातीर वेब पोर्टल www.gbshse.in १३ एप्रिल ते २१ एप्रिल २०२६ मेरेन उक्तें आसतलें. ही परिक्षा गोंयच्या दोन मुखेल केंद्रांनी जातली: म्हापसा: डी.एम. सरोजनी एम.कुशे उच्च माध्यमिक शाळा, आनी सरकारी बहुउद्देशीय उच्च माध्यमिक शाळा, बोर्डा, मडगांव. फकत मार्च 2026 परिक्षेंत अपेस आयिल्ले वा ग्रेड सुदारपाक सोदपी विद्यार्थीच हे परिक्षेक पात्र आसतले. लेखी परीक्षा सकाळच्या सत्रात

०९:३०क सुरू जातली.चड म्हायती खातीर विद्यार्थ्यांनी आपापल्या उच्च माध्यमीक शाळे कडेन संपर्क सादचो वा मंडळाच्या अधिकृत संकेतथळाक भेट दिवंची अशे गोंय शालांत मंडळान कळीत केलां.

आशा भोसले दुख

नामनेच्यो गायिका आशा भोसले हांचे मरणाक लागून मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे सयत हेर मानेस्तानी दुख उक्तायला. आशा भोसले हांचे मरणाक लागून माका दुख जाता. आपले आवाजान ताणी संगीत वाठाराक एक वेगळी दिका दिली. गाण्यांच्या माध्यमातल्यान त्यो सेगीत यादीत उरतल्यो, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणाला.आदले खासदार ॲड. नरेंद्र सावयकार, प्रदेश भाजप अध्यक्ष दामू नायक तशेच हेरांनी तांचे मरणा खातीर दुख उक्त्यालां.

सुण्यांखातीरची आसरोघरां

राज्य सरकारान दरेका जिल्हयात एक अशी सुण्यांखातीरची तीन आसरोघरां स्थापन करपाचे थारायलां.  चावो घेतात ते वा आक्रमक जाल्ल्या हेडपी सूण्यांक धरपाखातीर २० जाणाक नेमपाचोय निर्णय सारकारान घेतला.मनशाक चाबपी खंयच्याय भटक्या सुण्याक मूळ सुवातेर सोडचे पयलीं ताची आक्रमकता उणी करपाखातीर 15 दीस सुण्यांक आसरोघरांत दवरतले. फाटल्या वर्सा गोंयांत सुण्यांनी चावो घेतील्ले  दुयेंती 19,368 जाल्यार होच आंकडो 2024 वर्सा 17,323 इतलो आशिल्लो जाल्यार फकत साष्ट तालुक्यात हो आंकडो सगळ्यात चड म्हळयार 5,252 दुयेंती इतलो आसा. जे सगळ्या तालुक्यां परस चड आसा.

एस आय आर

एस आय आर वेळार गोंयांत वेंचणूक नोंदींत 10.2 टक्क्यांनी निव्वळ डिलीशनाची म्हत्वाची नोंद जाल्या. मतदार वळेरी  चोख  करपा खातीर घेतिल्लया एस.आय. आर प्रक्रियेत  गोंयासयत, अस्तंत बंगाल आनी तमिळनाडू हांचे वांगडा  चडना चड मतदारांची

नावा डिलीशन वर्गांत येता, हांतुन डुप्लीकेट आनी अपात्र नोंदी काडून उडोवपाचो केंद्रीत यत्न दाखयता.(एसआयआर) कामाचो दुसरो टप्पो जाल्ल्या 12 राज्यां मदीं गोंय 7वे सुवातेर आसा. एसआयआर उपरांत आतां गोंयांत नोंदणीकृत मतदारांची संख्या 10,57,566 जाल्या, जी आदल्या रोलांत 11,85,034 आशिल्ली.

**खासदार सदानंद शेट तानावडे**

"गोयची समृद्ध संस्कृताय तीगोन दवरपाक पेडणे तालुक्याचे योगदान अतुलनीय आसा . कला आणि संस्कृतीच्या प्रत्येक वाठारान पेडणेकरांनी आपली वेगळी ओळख निर्माण केल्या" असे प्रतिपादन राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तानावडे हाणी केले. पेडणे हंगा आयोजित *अभंग रिपोस्ट'** या सांस्कृतिक कार्यावलीच्या उक्तावनाक ते उलयताले.कार्यावलीचे आयोजन आमदार प्रविण आर्लेकर हांचा मार्गदर्शनाखाला केल्ले . या सुवाल्याक वेगवेगळ्या क्षेत्रांतल्या कलाकारांचो भोव्मान केलो . हातून नाटक, गायन, आनी तियात्र कलाकारांचो आस्पाव असलो . "आजच्या डिजिटल युगात तर्णती पिढी मोबाईल आणि कॉम्प्युटर व्यस्त आसात असे आपल्याक दिस्तले . मात ह्या कार्यावालिक मेल्लीलो उत्स्फूर्त प्रतिसाद पालयता नवी पिढी आपल्या कलेकडे आणि संस्कृतीकडे मोठ्या आशेने पलयता हे सिद्ध जाता अशे खासदार तानवडे हांनी मुखार सांगले .

**खेळा**

६९ व्या राष्ट्रीय शालेय खेळा सरती खातीर गोयचो अंडर १७ चले आनी अंडर १७ चलयांचो क्रिकेट पांगड वेचून काडपा खातीर खेळा आनी युवा वेवार संचालनालयान १३ एप्रिल ते १७ एप्रिल मेरेन निवड चाचणी आयोजित केल्या. अंडर १७ चाल्यान्चो पांगड वेचून काडपाखातीर १३ आनी १५ एप्रिल जाल्यार चलयान्चो पांगड वेचून काडपाखातीर १६ आणि १७ एप्रिल दिसा कंपालच्या उक्त्या मैदानार निवड चाचणी जातली. खेळगड्यांनी सकाळी ९.३० ते 10.३० वरा मेरेन हाजीर रावप गरजेचे आसा .

**हवामान**

पणजी  वेद्शालेन दिल्ले म्हयतीप्रमान  पणजे आनी मुरगाव  चडान चढ तापमान ३३.९ डिग्री सेल आनी उणेन उणे तापमान २५.2  डिग्री सेल नोंद केला.